Aakashvani Panaji Regional News 7.25 am 21st December 2025

Rashmi 82

गोंयच्या 1284 मतदान केंद्राचेंर आयज जिल्हो पंचायत वेंचणुकेखातीर 70 .81 टक्के मतदान जाला अशी म्हायती राज्य वेंचणुक कार्यालयान दील्या. उत्तर गोंयात 72.66 टक्के जाल्यार दक्षींण गोंयांत 68.93 टक्के मतजान जाला. ह्या वेंचणुकेत सगल्यात चड मतदान म्हणल्यारुच 88.29 टक्के मतदान लाटंमबारसे मतदार केंद्राचेंर जाला. जाल्यार सगल्यात उणे मतदान जाल्यार सगळ्यात उणे मतदान दक्षीण गोंयातल्या नावेली 55.29 टक्के इतके मतदान जाला. जिल्हो पंचायत वेंचणुकेत 295720 दादंल्यांनी , जाल्यार 319859 बांयलांनी , तशेचं 2 तृतीयपंथानी मतदान केला. 615581 मतदारांनी जिल्हो पंचायत वेंचणुकेखातीर आयज मतदान केला.

Sushant 122

जिल्हो पंचायत वेंचणुकेखातीर दक्षिण गोंयांतल्यान २५ जिल्हा पंचायत वांगडी वेंचून काडपाखातीर आयज जाल्ले मतदान सवस्तकायेन तसेच वायट घडणुकेविना जाले.काणकोण, केपे, सांगे, धारबांदोडा आनी फोंडे ह्या चार तालुक्यात जाल्ले मतदान ७० ते ७५ टक्के इतले जाल्ले आसून त्यामानान साश्टी आनी मुरगाव तालुक्यात जाल्ले मतदान ६० ते ६२ टक्क्यांच्या लागसार आसा. आयज सांजवेळा ४ वरांमेरेन दक्षिण गोंयांत ६१.७८ टक्के मतदान जाल्लें.अायज सकाळी ८ वरांसावन मतदान सुरु जाल्ले मात पयल्या दोन वरांत फकत १० टक्केच मतदान जाल्ले. दनपारच्या उपरांत ह्या मतदानात नेट आयिल्लो. ह्या मतदानात कांय जाण्ट्यांनी मतदान केंद्राचेर येवन मतदान केले. अशा मतदारांखातीर व्हील चेअरांची तजवीज केल्ली.दक्षिण गोंयांत खंयचेय सुवातीर कसली वायट घडणूक घडली ना अशी म्हायती दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा हांणी दिली

परिषद 97

भारत विकास परिषद आनी हर घर सावरकर योजना पुणे हांच्या संयुक्त जोडपालवान फाल्या 21 डिसेंबर 2025 या दिस सांजवेळ 4:30 वरांचेर दिवचले हांगसर श्री छत्रपती शिवाजी महाराज शाळा संकुलात स्वातंत्र्यवीर सावरकर हांचेर बरयल्या लेखनाचेर आधारित एक खास कार्यावळ जातली. या सोहळ्याक मुखेल सोयरे म्हणून मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले.मानाचे सोयरे म्हुण केंद्रीय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक, दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये, मयेचे आमदार  प्रेमेन्द्र शेट तशेच दिवचलचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हजर आसतले. श्री सात्यकी सावरकर हे मुखेल वक्ते म्हणून हजर असतले. रसिकांनी व्हडा संखेन हे कार्यावळीक हजर रावचें असो उलो दिवचल भारत विकास परिषदेन मारला.

फळफळावळ

नाताळ तशेंच नव्या वर्साच्या हंगामांत आनी चडांत चड पर्यटक गोंयात येवपाच्या काळांत, गोंय राज्य फळ फळावळ म्हामंडळ सोमारा सावन भाजीपाल्याची खरेदी सुमार २० टक्क्यांनी वाडयतले अशी म्हायती म्हामंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी दिल्या.कांदो, बटाट, टोमॅटो अशा गरजेच्या वस्तूंचेर खासा लक्ष दिलां, जीं आदींच खरेदी करतात. गोंयांत पुरवण केल्ल्या भाजये खातीर एक मुखेल सोर्सिंग हब आशिल्ल्या बेळगांवी मार्केटांत विक्रेचे मर्यादीत दीस पळोवन हो उपाय आंखला, जंय फकत बिरेस्तारा आनी शुक्रारा भाज्येची पावणी जाता.गरजेच्या हिरव्या भाजयेचे दर वाडचे नात अशें तांणी सांगले. नाताळाच्या दिसानी भाजयांक जरी वाडटी मांगणी आसली तरी भाज्यांचे दर वाडचे नात हाची जतनाय गोंय राज्य फळफळावळ म्हामंडळ घेतले अशें जाळवणदारांनी सांगलें.

Air sir 164

दूरदर्शनाच्या नेटवर्कांत 28 प्रादेशिक/राज्य पातळेचे चॅनल आसात, जे आपापल्या प्रादेशिक भाशांनी कार्यावळी प्रसारीत करतात. ऑल इंडिया रेडिओ देशभरांतल्या आपल्या ११२ प्रादेशिक चॅनलांतल्यान २३ मुखेल भाशांनी आनी १८२ बोलींनी कार्यावळी प्रसारीत करता.प्रेक्षकांची गरज आनी लोकसेवेचे उद्दिश्ट मतींत दवरून प्रादेशिक भाशांनी नवे कार्यक्रम सतत सुरू जातात.केंद्र सरकाराचे ‘प्रसारण मुळावी बांदावळ आनी जाळें विकास (बीएनआयडी)’ येवजणे खाला (2021-26) प्रसार भारतीचें आधुनिकीकरण आनी सुदारणा करपाचें काम वट्ट 100 रुपया खर्च करून हातांत घेतलां. दूरदर्शन आनी अखिल भारतीय रेडिओचेर उत्पादन उपकरणां, स्टुडिओ सुविधा, प्रक्षेपक आनी डिजिटल प्रसारण मुळाव्या साधनसुविधांचो आधुनिकीकरण करपाचेर हे येवजणेचो भर आसा.प्रसारण क्षेत्रांतल्या तंत्रीक उदरगतीक लागून प्रसार भारतीच्या कंत्राटी नेमणूक धोरणा प्रमाण भरती वरवीं बदलपी मनीसबळाची गरज पुराय जाता. ही नेमणूक केंद्रांच्या कार्यात्मक गरजा प्रमाण जाता.दूरदर्शनांत 65 कार्यावळी निर्मिती केंद्रां आनी ऑल इंडिया रेडिओ हांगा 230 केंद्रां आसून कार्यावळी निर्मिती खातीर स्टुडिओ सुविधा आसात.

Imd 21

गोय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण काल पणजेत चंडांत चड तापमान ३2 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 17 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports 33

एसीसी दादल्यांच्या 19 वर्सां सकयल्या आशिया करंड 2025 सर्तींत आयज सकाळीं दुबयच्या आयसीसी ॲकॅडमी मैदानाचेर जावपी निमाणे मॅचींत भारत प्रतिस्पर्धी पाकिस्तान संघा आड खेळटलो. भारतीय वेळा प्रमाण सकाळीं 10:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.